१०.०९.२०२६ सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- २० हजार ८०० कोटी रुपयां परस चड खर्चाच्या आठ रेल्वे मल्टी-ट्रॅकिंग प्रकल्पांक मंत्रिमंडळाची मंजुरी मेळल्या.
- मंत्रीमंडळाच्या निर्णया वरवीं प्रवाशांची जलद यो वच, अधिक घटमूट संपर्क व्यवस्था आनी अतिरिक्त मालयेरादारी क्षमता सुनिश्चीत जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.
- केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी गोंयांतल्या स लेनीच्या 'परवरी एलिव्हेटेड कॉरिडोर' चे उक्तावण केलें.
- आंतरराष्ट्रीय वेपारांत बायलां उद्देजक आनी बायलांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या वेवसायांक संद वाडोवपा खातीर ब्रिक्स देशांनी एकठांय येवन वावर करचो असो उलो केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी मारला.
- आयज 'संवसारीक आत्महत्या आडावपाचो दीस'. आत्महत्या आडावप आनी मानसीक भलायकेचें म्हत्व हांचे विशीं जागृताय करपा खातीर संवसारीक पांवड्यार हो दीस मनयतात.

२० हजार ८०० कोटी रुपयां परस चड खर्चाच्या आठ रेल्वे मल्टी-ट्रॅकिंग प्रकल्पांक मंत्रिमंडळाची मंजुरी मेळल्या. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या अध्यक्षतेखाल केंद्रीय मंत्रिमंडळान णव राज्यांमदी ह्या प्रकल्पांक मंजुरी दिली. हे प्रकल्प सुमार १,१९६ किमी अंतराखातीर आसतले आणि ताका लागुन रेल्वे संपर्क व्यवस्था सुधारप सद्याच्या मार्गांवेली गर्दी उणी करप तशेच प्रवासी आणि माल येरादारीची जलद हालचाल सोपी करप अपेक्षित आसा. हे प्रकल्प २०२९-३० मेरेन पुराय करपाचे उद्दिष्ट दवरला. नवी दिल्लीत जाल्या पत्रकार परिषदेत माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी केंद्रीय

मंत्रिमंडळान घेतिल्या निर्णयांची माहिती दिली. मंत्रिमंडळान तामिळनाडू, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक आणि तेलंगणा या राज्यांतल्या १७ जिल्हयांचो आसपाव आशिल्या पाच मल्टी-ट्रॅकिंग प्रकल्पांक मंजुरी दिली . हे प्रकल्प भारतीय रेल्वेच्या सद्याच्या नेटवर्कांत सुमार ५४० किलोमीटरची भर घालतले आनी ते २०२९-३० मेरेन पुराय करपाचे नियोजित आसा, सरकारान १० हजार ७०० कोटी रुपयांपरस चड खर्चाच्या आनीक तीन मल्टी-ट्रॅकिंग रेल्वे प्रकल्पांकुय मंजुरी दिली . हे प्रकल्प अस्तंत बंगाल, झारखंड, ओडिशा, मध्य प्रदेश आणि छत्तीसगड या राज्यांतले १४ जिल्ले आसपावीत करतले अशे वैष्णव हाणी सांगले.

मंत्रीमंडळाच्या निर्णया वरवीं प्रवाशांची जलद यो वच, अधिक घटमूट संपर्क व्यवस्था आनी अतिरिक्त मालयेरादारी क्षमता सुनिश्चीत जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. 10 हजार कोटी रुपयां परस चड खर्च आशिल्ल्या ह्या पांच रेल्वे प्रकल्पांक लागून दक्षिण भारतांत रेल्वे जोडणी आनीक वाडटली आनी लाखांनी लोकांक फायदो जातलो अशें तांणी सोशल मिडियाचेर पोस्ट केलां. तशेंच 10,500 कोटी रुपयां परस चड खर्च आशिल्ल्या तीन 'मल्टी ट्रॅकिंग' (अतिरिक्त रेल्वे ट्रॅक बांदकाम) प्रकल्पांचेर मंत्रीमंडळाचो निर्णय घेतिल्यान छत्तीसगड, झारखंड, मध्य प्रदेश, ओडिशा आनी अस्तंत बंगाल राज्यांनी रेल्वे नेटवर्काचो विस्तार आनी संपर्क सुदारपाक मजत जातली अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी गोंयांतल्या स लेनांच्या 'परवरी एलिव्हेटेड कॉरिडोर' चे उक्तावण केलें. सुदारीत मुळावी बांदावळ आनी बरी जोडणी केल्यार गुंतवणूक आकर्शीत जातली, नोकऱ्यो निर्माण जातल्यो आनी अर्थीक वाड वाडटली अशें तांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें. जंय बरी मुळावी बांदावळ आसा थंय भांडवल गुंतवणूक येता आनी जंय भांडवल गुंतवणूक जाता थंय रोजगार निर्माण जाता अशें ताणी सांगलें. गोंयांत हायवे, पुल, फ्लायओव्हर आनी बंदर जोडणी हांचे संबंदीत जायते प्रकल्प चालू आसात वा

पुराय जावपाक लागल्यात असोय उल्लेख तांणी केला. (**बाय्ट**) एनएच-66, एनएच-748 आनी विमानतळ जोडणी प्रकल्पांची प्रगती, तशेंच उत्तर आनी दक्षिण गोंय मदली जोडणी सुदारपाचे प्रस्ताव तांणी सांगले. सुमार 641 कोटी रुपया खर्च करून बांदिल्ल्या 5.15 किमी लांबायेच्या परवरी कॉरिडोरांत दिसाक 75 ते 80 हजार गाडयो चलपाची शक्यताय आसा आनी सध्याच्या रस्त्याचेर येरादारीची गर्दी सुमार 60 टक्क्यांनी उणी जातली. हाचे आदीं गडकरी हांणी जुवारी पुलाची तपासणी करून 'ट्विन ऑब्झर्व्हेटरी टॉवर्स'ची बुन्याद घाली. हे टॉवर्स देशांतले पयले टॉवर्स आसतले आनी दोन वर्सांनी ते पुराय जावपाची शक्यताय आसा अशें गोयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

आंतरराष्ट्रीय वेपारांत बायलां उद्देजक आनी बायलांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या वेवसायांक संद वाडोवपा खातीर ब्रिक्स देशांनी एकठांय येवन वावर करचो असो उलो केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी मारला. तशेंच पतपुरवण आनी बाजारपेठांची सोपेपणी उपलब्धता तशेंच बायलांच्या फुडारपणा खाला वेवसायांची वाड आनी संद वाडोवपा खातीर स्पश्ट आनी निश्चित नेमावळ केल्ल्या वेवसायांची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो.

आयज ‘संवसारीक आत्महत्या आडावपाचो दीस’. आत्महत्या आडावप आनी मानसीक भलायकेचें म्हत्व हांचे विशीं जागृताय करपा खातीर संवसारीक पांवड्यार हो दीस मनयतात. भावनीक संकश्टाक वा कठीण परिस्थितीक तोंड दिवपी व्यक्तींक वेळार आदार, समजूत आनी योग्य जतनाय घेवची पडटा हाची याद करून दिता. धीर धरून आनी पूर्वग्रहा बगर आयकल्यार अशा व्यक्तींक मदत आनी आदार घेवपाक प्रोत्साहन मेळूं येता हाचेर तज्ञ भर दितात. ह्या दिसा लोकांक आपल्या भोंवतणच्या लोकांच्या भावनिक बऱ्यापणा कडेन लक्ष दिवपाक प्रोत्साहन दितात आनी गरज पडल्यार कुटुंबांतल्या वांगड्यां

कडल्यान, विस्वासांत घेवपा सारके व्यक्तीं कडल्यान वा मानसीक भलायकी वेवसायिकां कडल्यान मदत घेवपाक मार्गदर्शन करतात.

हुंवाराच्या विध्वंसक परिस्थिती मदीं भारतान नेपाळाक दिवपी मानवतावादी मजत चड खर केल्या, 130 टन वयर आदार सामुग्री पावयल्या आनी सोद, बचाव आनी न्यायालयीन कार्यावळींनी मदत करपा खातीर 54 तज्ञ कर्मचाऱ्यांक नेमल्यात. भारतीय वायुसेनेचें आठवें विमान काठमांडूंत देंवलां अशे नेपाळांतल्या भारतीय दूतावासान काल सांगलां. 26 ऑगस्ट 2024 सावन सुरू जाल्ल्या चालू आशिल्ल्या मदत कार्यावळींतली ही निमाणी खेप. भारतांतल्यान mud rescue suits, गॅस डिटेक्टर, श्वास घेवपाची यंत्रणा, फुगवपाक येवपी मार्ग, पोर्टेबल जनरेटर, लायटींग टॉवर, उदकाचे पंप अशीं खाशेलीं तंत्रीक उपकरणांय धाडल्यांत. बळी पडपी लोकांची वळख करपाक मदत करपा खातीर भारतान डीएनए किट, रिएजंट्स, आनी डीएनए प्रोफायलिंग खातीर गरजेचीं उपकरणां दिल्यांत.

बनावट आणि भेसळयुक्त दर्जाच्या बियाण्यांक लागुन जावपी नुकसानीपासून देशातल्या शेतकऱ्यांचे संरक्षण करपाक सरकार एक नवीन आणि कठोर 'बियाणे कायदो' (Seed Act) हाडपाच्या तयारीत आसा. यासंदर्भात, केंद्रीय कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान आज नवी दिल्लीत देशभरातल्या मुखेल शेतकरी संघटनांच्या वरिष्ठ फुडाऱ्याकडे उंचा पावंड्यवेली चर्चा करतले. कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्रालयाच्या म्हायती प्रमाण प्रस्तावित कायदो हो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या समृद्ध आणि स्वावलंबी शेतकार समुदायाच्या संकल्पनेक साकार करपाच्या सरकारी प्रयत्नांचोच एक भाग आसा. या चर्चेचो उद्देश शेतकऱ्यांचे प्रत्यक्ष अनुभव, सूचना आणि चिंता हो या थेट बियाणे कायद्याच्या मसुद्यात आसपावित करप हो आसा अशेय मंत्रालयान नमूद केले.

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशात व्हड ते उटंगाराचो पावस पडपाचो रेड अलर्ट ज्यारी केला. फुडल्या दोन दिसांत आसाम, मेघालय, नागालॅंड, मणिपूर,

मिझोराम, त्रिपुरा, अस्तंत बंगाल, बिहार, झारखंड, छत्तीसगढ़, केरळ, माहे आनी उत्तराखंड वाठारांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. हवामान खात्यान ह्या म्हयन्याच्या 15 तारखे मेरेन तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांचेर वीज आनी वादळी वा-या वांगडा गडगडपाचो अदमास उक्तायला. अंदमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी मध्य प्रदेशांत फाल्यां मेरेन अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशात आयज उश्ण आनी दमट हवामान आसपाची शक्यताय आसा.

यूएस उक्त्या टॅनिस सर्तीत दादल्यांच्या एकोडी गटांत उपांत्य फेरयेंत अमेरिकेचो बेन शेल्टन आनी इकरावे सुवातेर आशिल्लो फ्रांसिस तियाफो हांचे मदीं खेळ जातलो. शुक्रारा बायलांच्या एकोडी उपांत्य फेरीत, आदली जैतिवंत आर्यना सबालेंका आनी तिसरे क्रमांकाची जेसिका पेगुला, जाल्यार चवथे सुवातेर आशिल्ली कोको गॉफ आनी कझाकस्तानची एलेना रायबॅकिना हांचे मदीं खेळ जातलो.